Panaji National 5th September 2025 8.40am

माल आनी सेवा कर (जीएसटी) तर्कसंगत करप हें स्वातंत्र्या उपरांतची सगळ्यांत व्हडली सुदारणा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हणलां. तांणी काल दिल्लींत राष्ट्रीय पुरस्कार फावो जाल्ल्या शिक्षकां कडेन संवाद सादलो.

आज शिक्षक दिस. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज नवी दिल्लीत विज्ञान भवनांत शिक्षकांक राष्ट्रीय पुरस्कार भेटयतल्यो.

आयज संवसारभर थिरु ओणम मनयतात.

पैगंबर हजरत मुहम्मद हांचो जन्मदिस ईद मिलाद-उन-नबी आज मनयतात.

भारतीय हवामान खात्यान आज महाराष्ट्र, मध्य प्रदेश, राजस्थान, सौराष्ट्र, कच्छ, कोंकण आनी गोंयात दाट उटनगराचो अदमास उक्तायला.

हॉकींत काल राजगीर आंतरराष्ट्रीय स्टेडियमाचेर जाल्ल्या आशिया कप चॅम्पियनशिपाच्या सुपर फोर स्टेज मॅचींत भारतान मलेशियाचेर 4-1 अशे जैत मेळयले.

PM GST – 150

माल आनी सेवा कर (जीएसटी) तर्कसंगत करप हें स्वातंत्र्या उपरांतची सगळ्यांत व्हडली सुदारणा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हणलां. ह्या निर्णयाक लागून जायत्या वस्तूंचेर कर उणो जावन मध्यमवर्गीय लोकांच्या बोलसांत पयशे येवपाची अपेक्षा आसा अशें मोदी हांणी सांगलें. रोटी आनी जीवनरक्षक वखदां सारकिल्ल्या जीवनावश्यक वस्तूंचेर कर पुरायपणान रद्द करतले अशें तांणी सांगलें. प्रधानमंत्री काल दिल्लींत राष्ट्रीय पुरस्कार फावो जाल्ल्या शिक्षकां कडेन उलयताले. नवरात्रेच्या पयल्या दिसा म्हळ्यार 22 सप्टेंबर सावन दोन स्लॅब कर लागू जातलो अशें मोदी हांणी सांगलें. नवरात्रेच्या पयल्या दिसा सावन लोकांक फायदे मेळपाक लागतले आनी हे खेपे धनतेरस आनीकय उत्साही आसतलो अशें तांणी मुखार सांगलें. लाल किल्ल्याच्या प्राचीरांतल्यान दिवाळी आनी छठच्या पयलीं फुडले पिळगेंतल्या

जीएसटी सुदारणांचो 'डबल धमाका' करपाचें उतर दिल्लें अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें. जीएसटी सुदारणांचो फायदो मध्यमवर्ग, नवमध्यम वर्ग, गरीब, तरणाटे आनी बायलांक जातलो अशें तांणी मुखार म्हळें. वेळार बदल जाले बगर आयच्या जागतीक परिस्थितींत भारताक आपली योग्य सुवात मेळूंक शकना अशें प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें.

GST – 60

जीएसटी काउन्सिलान दिसपट्ट्या वापरांतल्या जायत्या वस्तूंचेर दर कपात करपाक एकमतान मान्यताय दिल्या. हाका लागून चडसो वस्तू आनी सेवा सवाय जातल्यो.हे नवे दर ह्या म्हयन्याच्या 22 तारखे सावन लागू जातले.

नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांक संबोधीत करतना केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी सांगलें, ह्या सुदारणां वरवीं सरकारान कामगार प्रधान उद्देगांक खर आदार दिला, आनी शेतकारांक आनी शेतकी क्षेत्राकय ह्या निर्णयांचो फायदो जातलो. BYTE

Teachers Day – 90

आज शिक्षक दिस. हो दीस शिक्षणतज्ज्ञ आणि आदले राष्ट्रपती डॉ. सर्वपल्ली राधाकृष्णन हांच्या जयंती निमतान मनयतात. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज नवी दिल्लीत विज्ञान भवनांत शिक्षकांक राष्ट्रीय पुरस्कार भेटयतल्यो. हो प्रतिशठीत वर्सुकी पुरस्कार उत्कृश्ट शिक्षकांक दितात, जांणी आपल्या समर्पण आनी वचनबद्धते वरवीं शिक्षणाचो दर्जो उंचायला आनी विद्यार्थ्यांच्या जिविताचेर खोलायेन परिणाम केला.

काल नवी दिल्लींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी राष्ट्रीय पुरस्कार फावो जाल्ल्या शिक्षकां कडेन संवाद सादलो. ह्या वेळार मोदी हांणी भारतीय समाजांत शिक्षकां प्रति आशिल्ल्या स्वाभाविक सम्मानाची तोखणाय केली. राष्ट्रीय शिक्षक पुरस्कार मेळिल्ल्या सगल्या शिक्षकांक प्रधानमंत्र्यानि परबीं दिली.

Prez Teachers Day – 30

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी शिक्षक दिसाच्या निमतान देशभरांतल्या शिक्षकांक परबी दिल्या. शिक्षक हे समाजाचे मार्गदर्शक आनी आपल्या देशाचे भविष्य घडवपी शिल्पकार अशे राष्ट्रपतींनी आपल्या संदेशात म्हळां

Onam – 20

आयज संवसारभर थिरु ओणम मनयतात. केरळाचो हो सगळ्यांत व्हडलो सण आनी फाटल्या कांय दिसां सावन पुराय राज्यात उत्सवाचे वातावरण आसा.

Prez Onam – 30

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी सगळ्या नागरिकांक, खास करून केरळांतल्या लोकांक ओणमच्यो शुभेच्छा दिल्या. ओणम हो केरळच्या समृद्ध सांस्कृतिक वारशाचे आणि परंपरेचे एक अद्भुत उदाहरण अशे, राष्ट्रपती मुर्मू हाणी आपल्या संदेशात म्हळां.

**EID MILAD-UN-NABI - 35**

पैगंबर हजरत मुहम्मद हांचो जन्मदिस ईद मिलाद-उन-नबी आज देशाच्या वेगवेगळ्या वाठारांनी धर्मीक उत्साहात मनयतात. ह्या निमतान पैगंबर मुहम्मद हांच्या जिवन आनी शिकवणे संबंदीत "मिलाद महफिल" आनी "सीरत सम्मेलनां" घडोवन हाडटात आनी मिलाड जुलूसुय काडटात.

Prez Milad – 30

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी मिलाद-उन-नबीच्या निमतान सगळ्यांक, खास करून मुस्लिम समुदायाक शुभेच्या दिल्यांत. तांणी आपल्या संदेशात म्हळां पैगंबर मोहम्मद हाणी लोकांक एकता आणि मानवतेच्या सेवेचो संदेश दिला.

PM EU – 60

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी काल युरोपियन कौन्सिलचे अध्यक्ष एंटोनियो कोस्टा आणि युरोपियन कमिशनच्यो अध्यक्षा उर्सुला वॉन डेर लेयेन हांचे कडेन एकाच बरोबर दूरध्वनी वेल्यान संवाद सादलो. जागतीक मुद्द्यांचे संयुक्त समाधान,

स्थिरताय आनी परस्पर समृध्दी खातीर नियम-आधारित व्यवस्था वाढवपाक भारत-ईयू धोरणात्मक भागीदारीच्या भूमिकेचेर तांणी भर दिला.वेपार, तंत्रज्ञान, गुंतवणूक, नवनिर्माण,शाश्वतता, संरक्षण, सुरक्षा आनी पुरवण साखळींतल्या परिवर्तनशीलता ह्या सारक्या मुखेल वाठारांनी द्विपक्षीय संबंदांतल्या प्रगतीचे फुडाऱ्यांनी स्वागत केले.

India Singapore – 60

क्वांटम कंप्यूटिंग, एआय, ऑटोमेशन आनी मानवरहित जहाजां यासारख्या उदयोन्मुख वाठारांनी संरक्षण तंत्रगिन्यान सहकार्य आनीक वाडोवपाक भारत आनी सिंगापोर हांणी सहमती दाखयल्या.

संयुक्त निवेदनात म्हळां की दोनूय देशांनी सागरी सुरक्षा आणि पाणबुडी बचावात सहकार्य सुरू दवरपाक तसेच प्रादेशिक सुरक्षा चौकटीत एकत्र काम करपाचो निर्णय घेतला.

Onions –40

केंद्रीय अन्न आनी गिरायक वेव्हार मंत्री प्रहलाद जोशी हांणी काल दिल्ली, मुंबय आनी अहमदाबादात प्रतिकिलो २४ रुपया ह्या अनुदानित दरान कांदो विकपी मोबायल वाहनांक पांचवो बावतो दाखयलो. ह्या वेळार जोशी हाणी शेतकार आनी गिरायक कल्याणा प्रति सरकाराच्या वचनबद्धतेचेर भर दिलो.

Hallmark Silver -35

केंद्र सरकारान ह्या म्हयन्याच्या एक तारके सावन रुप्याच्या दागिन्यां खातीर स्वैच्छिक हॉलमार्किंग सुरू केल्या. गिरायक वेव्हार, अन्न आनी भौशीक वितरण मंत्रालयान निवेदनांत म्हणलां, हो निर्णय गिरायकांक धातू खरेदी करतना ताची शुध्दताय सुनिश्चीत करपाक मजत जातली.

UIDAI – 50

भारतीय विशिष्ट ओळख प्राधिकरणान ऑगस्ट म्हयन्यांत 221 कोटी परस चड आधार प्रमाणीकरण वेव्हार नोंद केल्यात. हातूंतल्यान भारताची वाडती डिजिटल अर्थवेवस्था आनी आधाराचो वाडतो वापर दिसून येता. आधार आदारीत प्रमाणीकरण प्रभावी कल्याणकारी वितरण करपा खातीर सुविधा दिवपी म्हूण वावुरता अशें इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्रालयान सांगलां.

Punjab – 40

पंजाबात सध्या  हुंवाराची बिकट परिस्थिती आसा. राज्यांतल्या एक हजार णवशें परस चड गांवांक हुंवाराचो परिणाम जाला आनी चार लाख एकरां परस चड शेतकी जमनी वेले पिक उदका पोंडा गेला. पंजाबांत पावसाक लागून जाल्ल्या घडणुकांनी मरण आयिल्ल्यांचो आंकडो 43 जाला.

Shivraj Punjab – 140

केंद्रीय शेती आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हाणी पंजाबांतल्या अमृतसर आनी गुरदासपूर जिल्ह्यांतल्या हुंवार पिडीत वाठारांक भेट दिली. शेतकारां सयत हुंवाराक लागून त्रास जाल्ल्या लोकां कडेन तांणी संवाद सादलो. केंद्रीय रेल्वे आनी अन्न प्रक्रिया उद्देग राज्यमंत्री रवनीत सिंग बिट्टू हेउय ताचे बरोबर आशिल्ले.अमृतसरांत पत्रकारां कडेन उलयतना शेती मंत्र्यांनी सांगलें, देशाची आनी मानवतेची सेवा करपाक पंजाबी सदांच मुखार आसात. पूण आज पंजाब हुवाराक लागून कठीण काळाक तोंड दिता आनी जायत्या गांवांचेर परिणाम जाला, शेतां उदका पोंडा गेल्यात आनी सामान्य जीवन विस्कळीत जाला. शिवराज सिंग चौहान हांणी सांगले परिस्थितीचो आढावो घेवपा खातीर प्रधानमंत्र्यानि आपल्याक धाडला आनी ह्या संकश्टाच्या काळांत केंद्र सरकार पुरायपणान पंजाबांतल्या लोकां बरोबर उबें आसा अशें आश्वासन तांणी दिलें.

IMD – 55

भारतीय हवामान खात्यान फुडले दोन ते तीन दीस गुजरातांतल्या काय सुवातींनी घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. तशेंच आज महाराष्ट्र, मध्य प्रदेश, राजस्थान, सौराष्ट्र, कच्छ, कोंकण आनी गोंयात दाट उटनगराचो अदमास

आयएमडीन उक्तायला. तशेंच आज बिहार, हिमाचल प्रदेश, जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, गिलगित बाल्टीस्तान, मुजफ्फराबाद आनी तेलंगनात काय सुवातींनी खर वारें, गडगड आनी जोगला मारून पावस पडपाचो अदमास खात्यान उक्तायला.

Hockey –70

हॉकींत काल सांजवेळा राजगीर आंतरराष्ट्रीय स्टेडियमाचेर जाल्ल्या आशिया कप चॅम्पियनशिपाच्या सुपर फोर स्टेज मॅचींत भारतान मलेशियाचेर 4-1 अशे जैत मेळयले. यजमान पंगडा खातीर मनप्रीत सिंग, सुखजीत सिंग, शिलानंद लकरा, विवेक सागर प्रसाद हांणी दरेकीं एक गोल केलो. ह्या जैताक लागून भारत चार गूण मेळोवन कोरिया, मलेशिया, चीन, आनी भारत हांचो आस्पाव आशिल्ल्या सुपर फोर गटांत पयल्या सुवातेर पावला. हॉकी इंडियाचो कर्णधार हरमनप्रीत सिंगान पंगडाच्या कामगिरीचेर आनी मलेशियाचेर मेळिल्ल्या जैताचेर समाधान उक्तायलें.